Panaji National 26th July 2025 6.30pm

PM Maldives – 115

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज मालदीवचे उपराष्ट्रपती हुसेन मोहम्मद लतीफ हांचे कडेन बसका घेतली. दोनूय फुडाऱ्यांनी भारत-मालदीव इश्टागतीचेर चर्चा केली, जातूंत मुळावी बांदावळ, तंत्रगिन्यान, हवामान बदल, उर्जा, ह्या सारक्या वाठारांचेर लक्ष केंद्रीत केलें. दोनूय देशा मदल्या लागींच्या सहकार्याक लागून तांच्या लोकांक व्हड फायदो जाला आनी येता त्या वर्सांनी दोनूय देश आपली भागीदारी खोलायेन वाडोवपाची आस्त बाळगितात हाजेर प्रधानमंत्री मोदी हांणी भर दिलो.

तशेंच प्रधानमंत्री मोदी हांणी पीपल्स मजलिस (मालदीव संसद) चे अध्यक्ष अब्दुल रहीम अब्दुल्ला हांचे कडेन चर्चा केली.

प्रधानमंत्री मोदी हाणी मालदीवचे आदले राष्ट्रपती मोहम्मद नशीद हांचींय भेट घेतली. भारत क्षमता निर्माण आनी उदरगत सहकार्या वरवीं मालदीवाक आदार दितलो अशे आश्वासन प्रधानमंत्री मोदी हांणी दिले. मालदीवच्या वेगवेगळया राजकी पक्षांच्या फुडाऱ्यां कडेनय प्रधानमंत्र्यानि बसका घेतली.

TN PM – 95

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजवेळा तमिळनाडूच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर तुतीकोरीन पावतले. सांजवेळा 7.45 वरांचे सुमाराक प्रधानमंत्री मोदी तुतीकोरीन विमानतळाच्या नव्या टर्मिनल इमारतीचें उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री 4800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळया प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. अरियालूर जिल्ह्यांतल्या गंगईकोंडा-चोलापुरम देवळांत चोल सम्राट राजेंद्र चोल पयलो हाच्या आदि थिरुवथिरल उत्सवाक ते हाजीर रावतले.

थूथुकुडींतल्या उद्देगीक मंचांनी नव्या विमानतळ टर्मिनल इमारतीच्या बहुप्रतिक्षित उक्तावणाक येवकार दिला, ह्या उदरगतिक लागून ह्या प्रदेशातल्या औद्योगिक क्षेत्र आणि मालवाहतूक क्षमतेत लक्षणीय वाढ जातली अशे अधोरेखित केला. ताका लागून तुतीकोरिनांतल्यान निर्यात वाडटली अशें भारतीय वाणिज्य मंडळाचे सचीव पोन वेंकटेश हांणी सांगलें.

Kargil Vijay Divas – 130

देशभरात आयज कारगिल विजय दिवस मनयतात. १९९९ वर्सा पाकिस्ताना आड जाल्ल्या कारगिल झुजांत शहीद जाल्ल्या धाडसी सैनिकांच्या उगडासात हो दीस मनयतात. हो दिस कारगिल युद्धात पाकिस्तानविरुद्धच्या 'ऑपरेशन विजयच्या' यशाचे प्रतीक.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आज कारगिल विजय दिसा निमतान शूर सैनिकांना श्रद्धांजली ओपली. हो दिस देशाच्या सैनिकांच्या असाधारण शौर्य, धैर्य आणि दृढनिश्चयाचे प्रतीक आसा अशे राष्ट्रपतींनी आपल्या संदेशात म्हळां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज कारगिल विजय दिवसाच्या निमतान देशवासियांक शुभेच्छा दिल्या.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज कारगिल दिसा नवी दिल्लींतल्या राष्ट्रीय युद्ध स्मारकाक भेट दिवन 1999 वर्सा कारगिल झुजांत शहीद जाल्ल्या धाडसी सैनिकांक आर्गा ओपली. संरक्षण सचिव राजेश कुमार सिंह, प्रमुख रक्षा अध्यक्ष जनरल अनिल चौहान, लष्कर प्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी, हवाई दल प्रमुख एअर चीफ मार्शल एपी सिंग आणि नौदल प्रमुख ॲडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हाणीय सैनिकांक आर्गा ओपली.

Bihar – 55

बिहारांतल्या पत्रकारांक आतां 15 हजार रुपयांचे म्हयन्याळी पेन्शन मेळटले. मुख्यमंत्री नीतीश कुमार हांणी आयज सोशल मिडियाचेर ही म्हायती दिली. बिहार पत्रकार सम्मान पेन्शन येवजणे खाला आतां सगल्या पात्र पत्रकारांक 6 हजार रुपया बदला म्हयन्याक 15 हजार रुपया पेन्शन मेळटले अशें तांणी सांगलें. हे संबंदी गरजेच्यो पावलां उबारपाची सुचोवणी म्हायती आनी जनसंपर्क खात्याक दिल्या अशें कुमार हांणी सांगलें.

Goa Governor - 85

गोंयचे नवे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचो सोपूतविधी सुवाळो आयज सकाळीं दोना पावला राजभवनाच्या नव्या दरबार हॉलांत जालो. मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोय खंडपीठाचे मुख्य न्यायाधिश आलोक आराधे हांणी पुसापती अशोक गजपती राजू हांका गोंयच्या राज्यपाल पदाचो सोपुत दिलो.

सोपुतविधी सुवाळयाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय नागरी उड्डान मंत्री के. राममोहन नायडू, केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक, आंद्रप्रदेश विधानसभेचे सभापती चिंताकयाला

आय्यान्नापत्राडू, आंद्रप्रदेशच्यो महिला आनी बाल कल्याण मंत्री श्रीमती गुमिदी संध्या रानी, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, गोंय मंत्रीमंडळातले वांगडी, खासदार, आमदार आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

IMD – 60

भारतीय हवामान खाते (IMD)न फाल्या मेरेन छत्तीसगड, मध्य महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, विदर्भ, कोकण आणि गोयांत दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला. आयएमडीन आज अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, किनारी कर्नाटक, पूर्व राजस्थान, झारखंड, केरळ, माहे, मराठवाडा, नागालँड, मणिपूर, मिझोरम आणि त्रिपुरा, ओडिशा, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, तामिळनाडू, पुडुचेरी आणि कराईकल हांगा काय सुवातींनी मुसळधार ते अतिमुसळधार पावस पडपाची शक्यता उक्तायल्या.